आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

21 April 2025 6.30pm

## पीएम नागरी सेवा दीस

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां की, आपलें सरकार ज्या धोरणांचेर सध्या काम करता,ती धोरणा फुडल्या हजार वर्सांचो फुडार, घडोवपाची आसात. ह्या दृश्टीकोना खातीर दर दिसा आनी दरेक खिणाक, अथक परिश्रम करपाचो उलो, प्रधानमंत्री मोदी हांणी मारला. आयज नवी दिल्लींत 17व्या नागरी सेवा दिसा निमतान, नागरी सेवकांक संबोधीत करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि फाटल्या 10 ते 11 वर्सां मेळिल्ल्या यशान, विकसीत भारताची घट बुन्याद घाल्या. विकसीत राश्ट्राचें ध्येय साध्य करपाक, सामुहीक यत्न आनी निश्चय हांच्या म्हत्वाचेर, ताणें भर दिलो. फाटल्या धा वर्सांत, भारतात बदल आनी प्रभावी परिवर्तन पळोवपाक मेळ्ळां, अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

## पीएम सऊदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां जेद्दाह हांगा पावतले. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री एका कारखान्यांक भेट दितले आनी थंयच्या भारतीय कामगारांकडेन संवाद सादतले. साउदी अरेबियांत, भारतीय गुंतवणूक हालींच्या वर्सांनी खूब वाडल्या. ही गुंतवणूक वेवस्थापन आनी सल्लागार सेवा, बांदकाम प्रकल्प, दूरसंचार, म्हायती तंत्रज्ञान, अर्थीक सेवा, सॉफ्टवॅर विकास, आनी वखदां सयत विंगड विंगड क्षेत्रांनी पातळ्ळ्या. साउदी अरेबियांत जायत्या भारतीय कंपनींनी आनी कॉर्पोरेट गटांनी आपली हजेरी लायल्या. साउदी अरेबियांत योगाक लोकप्रियता आनी अधिकृतपणान मान्यताय मेळ्ळ्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची ही भेट भारत आनी साउदी अरेबिया हांचे मदले राजनयिक, अर्थीक आनी संस्कृतीक संबंद, आनीक घटमूट करतली.

पोप फ्रान्सिस

बरोच तेंप दुयेंत उरल्या उपरांत, पोप फ्रांसिस संवसाराक अंतरलें. ते ८८ वर्स पिरायेचे आशिल्ले. कॅथलिक इगर्जेक नवो आकार दिवपी, गरीबांचो आवाज म्हणून, पोप फ्रांसिस हांका वळखतात. पोप फ्रांसिस हे इतिहासांतले सगल्यात पोरने पोप आशिल्ले. मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पोप फ्रांसिस हांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि पोप फ्रांसिस हे संवसारभरांतल्या लाखांनी लोकांक दया, नम्रताय आनी आध्यात्मिक धैराचो दिवो म्हणून, सदांच याद उरतले. तांणी गरीब लोकांची, मेहनतीन सेवा केली आनी त्रास सोंसपी लोकांमदि आशेची भावना तिगयली, अशेंय तांणी सांगलें.

सीतारामन अमेरिका

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हिणे म्हळां, कि 2047 मेरेन 'विकसित भारत' करपाची सरकाराची मोख बायलां, गरीब, तरणाटे आनी शेतकार हांचेर परिणाम करपी क्षेत्रांत, सुदारणां करपाचो आस्पाव करता. आयज अमेरिकेंत भारतीय समुदायाक संबोधीत करतना, तीणे सांगले, कि भारत देश डिजिटल, भौशीक मुळाव्या साधनसुविधां मदीं, फुडारी म्हूण उबो रावता आनी नवनिर्माण घडोवन हाडटा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाक लागून आनी सरकारान दिल्ले स्थिरतायेक लागून, भारत देश सगळ्यांत नेटान वाडपी अर्थवेवस्था जाल्या, अशेंय मंत्री सीतारमण हिणे सांगलें. मंत्री सीतारमण पांच दिसांच्या, अमेरिका भोंवडेर आसात.

झारखंड

झारखंडांत आयज बोकारो जिल्हयांत लु-गु दोंगुल्ल्यानी, नक्सली आड पुलिस आनी निम-लष्करी दळांच्या, संयुक्त पंगडा मदीं जाल्ल्या चकमकींत, सुमार 8 नक्षलवाद्यांक मरण आयलां. झारखंडाचे डीजीपी अनुराग गुप्ता हाणी आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना सांगलें, कि सुरक्षा दळानी, 8 माओवाद्यांक निश्क्रीय करून तांचेकडल्यान, शस्त्रां जप्त केल्यात. झारखंड जॅगुआर, पुलीस आनी CRPF हांणी ही कारवाय केल्या, अशें गुप्ता हाणी सांगलें. सुमार 2 वरां हि चकमक सुरु आशिल्ली. ह्या चकमकी वेळार रामगढ जिल्हया कडेन, पळून गेल्ल्या नक्षलवाद्यांक लाल-पानिया जागेश्वर बिहार रस्त्याचे सुरवेक, वेढो घातला. फारपेट बंद जाल्या पूण, सोद कारवाय चालू आसा, अशें CRPFच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

बीसीसीआय

रोहित शर्मा, विराट कोहली, जसप्रीत बुमराह आनी रविंद्र जडेजा, टी-20 आंतरराष्ट्रीय फॉर्मेटांतल्यान निवृत्त जाले आसले, तरी तांचो 'ए' प्लस श्रेणीचो करार तिगोवन दवरला. भारतीय क्रिकेट नियंत्रण मंडळान आयज, 2024-25 खातीर दादल्यांच्या कंत्राटांची वळेरी जाहीर केली. बीसीसीआय 'ए' प्लस श्रेणीतल्या खेळगड्यांक, वर्सुकी 7 कोटी रुपया वार्षिक मानधन दिता, जाल्यार 'ए' श्रेणीतल्या खेळगड्यांक 5 कोटी रुपया मेळटात. 'बी' श्रेणीतल्या खेळगड्यांक 3 कोटी, जाल्यार 'सी' श्रेणीतल्या खेळगड्यांक, दरेकीं 1 कोटी दिल्यात.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेटांत, आयज कोलकाता नाइट रायडर्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं खेळ जातलो. ही मॅच सांजे 7.30 वरा, कोलकाताच्या ईडन गार्डन स्टेडियमांर सुरु जातली. सात मॅचींतल्यो पांच मॅची जिखून, 10 गूण मेळोवन, गुजरात पंगड पयल्या सुवातेर आसा. जाल्यार, कोलकाता तीन खेळांनी जैत आनी चार खेळांनी हार खावन, सातव्या क्रमांकाचेर आसा.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या ५ दिसांत मध्य भारतात, उश्णतायेचे ल्हार पातळपाचो अदमास उक्तायला. ह्या म्हयन्याचे 25 तारखे मेरेन उदेंत राजस्थान, मध्य प्रदेश, विदर्भ आनी छत्तीसगडात उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती कायम उरतली. फुडल्या 3 दिसांत मध्य भारत आनी गुजरात हांगा, चडांत चड तापमान 2 अंश सेल्सियस आनी फुडल्या 4 दिसांत, उदेंत भारतात 4 ते 6 अंश सेल्सियस इतले, वाडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, ईशान्य भारतात ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखे मेरेन, उटांगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या 7 दिसांत कर्नाटक, आंध्र प्रदेश, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी तेलंगना वाठारांत गडगड, जगला आनी वादळी वारें सयत हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास, हवामान खात्यान उक्तायला.

नमस्कार !